राष्ट्रीय खबरो  देवश्री कामत 27.05.2025 @ 8.40 am

आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी देवश्री कामत तुमका राष्ट्रीय खबरो दीता. हयो आसात काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती भवनांत आयज जावपी दुसऱ्या नागरी पुरस्कार सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू पद्म पुरस्कार प्रदान करतली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातांत गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.

तमिळनाडूच्या स आनी आसामाच्या दोन सुवाती सयत आठ राज्यसभेच्या सुवातांचेर द्विवार्षिक वेंचणुकेचें वेळापत्रक वेंचणूक आयोगान जाहीर केलां

पाकिस्तानांतल्या शारांनी आनी गावांनी आतंकवादी संघटना उक्तेपणान कार्यरत आसात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नदरेक हाडला

दर्यादेगेवेल्या आनी दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, कोंकण, गोंय, आनी मध्य महाराष्ट्रात  आयज काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास भारतिय  हवामान खात्यान उक्तायला.

काल स्वित्झर्लंडांत जाल्ल्या नॉटविल वर्ल्ड पॅरा एथलेटिक्स ग्रॅण्ड प्रिक्सांत भारतीय पॅरा खेळगडो महेंद्र गुर्जरान दादल्यांच्या भालाफेक  F42 प्रकारात नवो संवसारीक विक्रम करून इतिहास रचलो.

मुर्मू  60

राष्ट्रपती भवनांत आयज जावपी दुसऱ्या नागरी पुरस्कार सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू पद्म पुरस्कार प्रदान करतली. देशांतले सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांपैकी एक  पद्म पुरस्कार हे पद्म विभूषण, पद्मभूषण आनी पद्मश्री ह्या तीन श्रेणीत दितात. हे पुरस्कार कला, समाजीक वावर, भौशीक वेव्हार, विज्ञान आनी अभियांत्रिकी, वेपार आनी उद्देग, वैजकी, साहित्य आनी शिक्षण, खेळ, नागरी सेवा ह्या सारक्या विंगड विंगड विशयांनी आनी वावरच्या मळार दितात.

मोदी 55

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातांत गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत पांच हजार पाचशे छत्तीस कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. ह्या प्रकल्पांत शारी उदरगत, मुळावी बांदावळ, उदका संसाधन वेवस्थापन, भलायकी जतनाय,

आनी महसूल सेवा अशा मुखेल क्षेत्रांचो आस्पाव जाता. गुजरात शार उदरगत कथेच्या 20 वर्सांचो उगडास करपा खातीर गांधीनगरांत जावपी खाशेल्या कार्यावळींतूय प्रधानमंत्री वांटो घेतले.

मोदी 55

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताच्या म्होंव उद्देगाच्या फाटल्या दशकांतल्या परिवर्तनकारी प्रवासाचेर भर दिला. आयतारा ताच्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीच्या मन की बात कार्यावळीच्या नव्या आवृत्तींत ताणी देशांतल्या म्होंवाच्या उत्पादनांत 60 टक्क्यांनी उल्लेखनीय वाड जाल्ल्याचें नदरेक हाडलें. तशेंच संवसारीक मधमाशी दीस आनी मधमाशी अभियाना बद्दलय उलोवन करून छत्तीसगडांतल्या कोरिया जिल्ह्याचें उदाहरण दिवन मधमाशी पोसपांत यश मेळयलां अशे म्हणले .

EC 90

तमिळनाडूच्या स आनी आसामाच्या दोन सुवाती सयत आठ राज्यसभेच्या सुवातांचेर द्विवार्षिक वेंचणुकेचें वेळापत्रक वेंचणूक आयोगान जाहीर केलां. आयोगाच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखेक अधिसुचोवणी जारी जातली आनी एकोणीस  जून दिसा मतदान जातलें.मतांची मेजणी त्याच दिसा जातली.अंदू जून ते जुलय ह्या काळांत राज्यसभेच्या आठ सदस्यांचो  कार्यकाळ सोंपता म्हणून द्विवार्षिक वेंचणूक जावपाची आसा. तमिळनाडूचे स राज्यसभा खासदार डॉ.अंबुमनी रामादोस, एम. षण्मुगम, एन.चंद्रशेघरन, एम.मोहम्मद अब्दुल्ला, पी.विल्सन आनी वैको अंदू चोवीस  जुलयाक निवृत्त जातले. मिशन रंजन दास आनी बिरेंद्र प्रसाद बैश्य हांच्या निवृत्ती खातीर फुडल्या म्हयन्याचे 14 तारखेक आसामांतल्यो दोन सुवाती रिक्त जातल्यो.

राजनाथ 120

संरक्षण उद्देगीक आदार घटमूट करपाक आनी संरक्षण भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांची स्पर्धात्मकता वाडोवपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलां. सिंग हाणी काल नवी दिल्लींतल्या आठ DPSUच्या कामगिरीचो नियाळ घेतलो. हे बसकेंत ताणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतीय सशस्त्र दळांच्या तयारीचे प्रदर्शन करपी प्लॅटफॉर्म आनी तंत्रगिन्यान तयार करपाक DPSU सयत पुराय संरक्षण उद्योगाच्या भूमिकेचे कौतुक केले.

सद्याची भू - राजकीय परिस्थिती आनी हालींच्या काळांतल्या घडामोडींचो विचार करून ताणी DPSU क आर्विल्ल्या झुजाच्या उदयाक येवपी मळार संशोधन आनी विकासाचेर चड लक्ष केंद्रीत करून नवीनतम तंत्रगिन्यानाचेर आपलें उत्पादन वाडोवपाचें निर्देश दिलें. सशस्त्र दळाक वेळार उत्पादनां पावोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक संरक्षण मंत्र्यानी DPSU क उलो मारला. हिंदुस्तान एरोनॉटिक्स लिमिटेडाक महारत्नाचो दर्जो मेळिल्ल्या खातीर आनी माझागोन dock shipbuilders लिमिटेड कंपनीक नवरत्नाचो दर्जो मेळिल्ल्या खातीर तांणी परबीं दिली.

जयशंकर 130

पाकिस्तानांतल्या शारांनी आनी गावांनी आतंकवादी संघटना उक्तेपणान कार्यरत आसात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नदरेक हाडला. पाकिस्तानांत आतंकवाद हो एक उक्तो वेवसाय आसून ताका पाकिस्तानी लश्कर आनी राज्य तेको दीता अर्थीक आदार दीता आनी तांचो वापर करता अशें तांणी सांगलें. जर्मन दिसाळ्याक दिल्ले मुलाखतींत डॉ. जयशंकर हाणी म्हणले की, भारतान दहशतवाद्यांक स्पष्ट संकेत दिला की दहशतवादी हल्ले करपाची तांका किंमत मेजची पडतली.पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचेर भारतान दिल्ल्या प्रत्युत्तराक जाप दितना परराश्ट्र मंत्र्यान भारतीय हल्लो मेजमपुन केललो आनी तो वाडटो नाशिललो अशें सांगलें. भारतान तांची हवाई संरक्षण यंत्रणा अक्षम करपाक शकता हें दाखोवन दिलां अशें तांणी सांगलें. भारत आनी पाकिस्तान हांचेमदल्या झुजबंदीचेर डॉ. एस. जयशंकर हाणी अधोरेखित केले की दोनय वटेणच्या लष्करी कमांडर्समदी थेट संपर्कावरवी फारपेट थांबोवपाचेर सहमती झाली

विजिट 190

भारतान वेगवेगळ्या देशांक भेट दिवन भारताचो आतंकवादा आड शून्य सहनशीलतेचो संदेश पातळावन संवसारीक मळार पाकिस्तानचो आतंकवादाक दिल्लो तेंको उक्तो करपाचें काम चालूच दवरलां. आतंकवादाच्या झुजांत भारत एकवटीत आसा आनी हो संदेश संवसाराक दाखोवपाक सोदता अशें फ्रांसाक वचपी सर्वपक्षीय शिष्टमंडळाचे नेतृत्व करपी भाजप खासदार रविशंकर प्रसाद हांणी सांगलें. पॅरिसांत भारतीय डायस्पोरा कडेन संवाद सादतना प्रसाद हांणी सांगलें की आपली भेट एक व्हड यत्नांचो एक भाग आसा, जातूंत सात प्रतिनिधी मंडळ संवसारभर भोंवून आतंकवादाच्या आड भारताची भुमिके विशीं जागृताय निर्माण करतात. हेर सर्वपक्षीय संसदीय

शिश्टमंडळांनी काल दक्षिण कोरिया, कुवेत, कतार, डीआर काँगो आनी स्लोव्हेनियाच्या फुडाऱ्यांक आतंकवादाच्या खंयच्याय कृत्याक खर प्रतिसाद दिवपाच्या भारताच्या नव्या सिध्दांता विशीं म्हायती दिली आनी आतंकवादाच्या गुन्यांवकारांक, अर्थीक आदार दिवपी आनी समर्थकांक न्याय मेलोवन दिवपाक तांचो आदार मागलो.

पाकिस्तानाच्या आतंकवादाचेर भारत आतां ओगी रावचो ना आनी ताका खर प्रतिसाद दितलो अशें सर्वपक्षीय शिश्टमंडळाचें कुवेतांत फुडारपण करपी भाजपा खासदार बैजयंत पांडा हांणी सांगलें. पाकिस्तान पुरस्कृत  आतंकवादाचेर उलयतना भाजपा फुडारी पांडा हांणी सांगलें, की भारतान करार आनी राजनैतिक मुत्सद्देगिरी सयत वेगवेगळया मार्गांचे यत्न केल्यात, पूण आतां अणु हल्याच्या ब्लॅकमेलाक बळी पडचे नात. आखाती देशां कडेन भारताचे संबंद घटमूट करपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केल्ल्या यत्नांची तांणी तोखणाय करून कुवेतांतल्या भारतीय समाजाचो आदेर करतात अशें सांगलें.

गोवा 140

आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या फाटभुएर गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मंत्रालयांत वेगवेगळ्या खात्याच्या सचीवां कडेन बसका घेतली. 21 जुनाक भारतात 10 वो योग दिस मनयता. हे फाटंभुयेंर गोंयांत लेगीत 30 हजार सुवातीनी योग दिसांची कार्यावळ जातली. ग्रामपंचायत, नगरपालिका, शाळा, म्हाविद्यालया, सरकारी कार्यालया तशेचं हेर वाटारांनी 21 जुनाक योग दिसाच्यो कार्यावळी आयोजित जातल्यो अशी म्हायती गोंयचे  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

वेदर 95

दर्यादेगेवेल्या आनी दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, कोंकण, गोंय, आनी मध्य महाराष्ट्रात  आयज काय सुवातींनी घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास भारतिय  हवामान खात्यान उक्तायला. छत्तीसगढ, केरळ, गंगेटिक  अस्तंत  बंगाल, माहे, मराठवाडा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, अंदमान  आनी निकोबार जुंवो, ओडिशा, आनी ईशान्य राज्यांनीय फुडले  2-3 दिस घोग्यांनी  पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान फुडले  2-3 दिस हिमाचल प्रदेश, दिल्ली, आंध्र प्रदेश, राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, ओडिशा, आनी  अस्तंत  बंगाल  ह्या  वाठारांनी  वीज, गडगड  आनी  वादळी वाऱ्या  येवपाचो  अदमास काडला. आयज हिमाचल प्रदेशांत गारपिटाची  शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यानं  सांगलें. अस्तंत राजस्थानांतल्या काय सुवातींनी उश्णतायेचीं ल्हारां आनी धुळीची वादळा  येवंक शकतात.

पॅरा 70

काल स्वित्झर्लंडांत जाल्ल्या नॉटविल वर्ल्ड पॅरा एथलेटिक्स ग्रॅण्ड प्रिक्सांत भारतीय पॅरा खेळगडो महेंद्र गुर्जरान दादल्यांच्या भालाफेक F42 प्रकारात नवो संवसारीक विक्रम करून इतिहास रचलो. गुर्जरान हे सर्तींत दादल्यांच्या भालोफेक F42 विभागांत एकसष्ट पूज्य सतरा मीटरची शानदार फेक करत भांगरा पदक जिखून जैताच्या वाटेर नवो विक्रम प्रस्थापित केलो

आणि आता खबरो सोपोवचे परत काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती भवनांत आयज जावपी दुसऱ्या नागरी पुरस्कार सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू पद्म पुरस्कार प्रदान करतली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातांत गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.

तमिळनाडूच्या स आनी आसामाच्या दोन सुवाती सयत आठ राज्यसभेच्या सुवातांचेर द्विवार्षिक वेंचणुकेचें वेळापत्रक वेंचणूक आयोगान जाहीर केलां

पाकिस्तानांतल्या शारांनी आनी गावांनी आतंकवादी संघटना उक्तेपणान कार्यरत आसात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नदरेक हाडला

दर्यादेगेवेल्या आनी दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, कोंकण, गोंय, आनी मध्य महाराष्ट्रात आयज काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास भारतिय हवामान खात्यान उक्तायला.

काल स्वित्झर्लंडांत जाल्ल्या नॉटविल वर्ल्ड पॅरा एथलेटिक्स ग्रॅण्ड प्रिक्सांत भारतीय पॅरा खेळगडो महेंद्र गुर्जरान दादल्यांच्या भालाफेक F42 प्रकारात नवो संवसारीक विक्रम करून इतिहास रचलो.

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो राष्ट्रीय खबरो आयकात सांजेच्या 6.30 मिनिटांचेर नमस्कार